**Akashwani Panaji 26th April 2026 National news 8.40 am**

- अस्तंत बंगाल विधानसभा वेंचणूक 2026 च्या दुसऱ्या पांवड्या खातीर राज्यभर प्रचाराक नेट आयला.
- आयज सकाळीं 11 वरांचेर आकाशवाणीचेर जावपी मन की बात कार्यावळींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी देशांतल्या आनी विदेशांतल्या लोकां कडेन आपले विचार मांडटले .
- भारतांतल्या नामनेच्या शिक्षणीक संस्थांतल्या श्री राम कॉलेज ऑफ कॉमर्साच्या गव्हर्निंग बॉडीचो आस्पाव आशिल्ल्या शिश्टमंडळाक प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीची भेट जाली.
- देशभरांत पेट्रोलियम उत्पादन आनी एलपीजीची अखंड उपलब्धताय सुनिश्चीत करपा खातीर सरकारान जायतीं पावलां उबारल्यांत.

---

**90 राधाकृष्णन**

कॅन्सरा आड झुजपाक आनी दुर्येसाचेर जैत मेळोवपाखातीर मानसीक बळगें म्हत्वाचें अशें उप राष्ट्रपती सी.पी.राधाकृष्णन हांणी म्हणला. जयपूरांत राजस्थान विद्यापिठाच्या पस्तीसाव्या दीक्षांत सुवाळयांत ते उलयताले. कॅन्सर जावचो न्हय म्हूण, खास करून तरणाट्यांक मादक पदार्थ आनी तंबाखू पासत पयस रावपाचो उलो तणी मारला. कॅन्सर आडावपा विशीं लोकांक शिक्षण दिवपा खातीर व्हड प्रमाणांत भौशीक जागृताय मोहीम सुरू करपाचो उलो ताणी मारला Byte

---

**निर्मला**

केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी काल सगळ्या अर्थीक नियंत्रकांक सामान्य नागरिकांखातीर केवायसी प्रक्रिया सोपी करपाखातीर एकठांय काम करचें असो उलो मारला. काल मुंबयंत सेबी म्हाळयार भारतीय सुरक्षा आनी विनिमय मंडळाच्या आडतिसाव्या स्थापना दिसाच्या सुवाळ्यान त्यो उलयताल्यो. Byte

---

PM

आयज सकाळीं 11 वरांचेर आकाशवाणीचेर जावपी मन की बात कार्यावळींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी देशांतल्या आनी विदेशांतल्या लोकां कडेन आपले विचार

मांडटले . म्हयन्याळ्या रेडिओ कार्यावळीचो हो 133 एपिसोड आसतलो. हि कार्यावळ पुराय आकाशवाणी आनी दूरदर्शन नेटवर्क, एअर न्यूज संकेतथळ, न्यूजॉन एअर मोबायल ॲपाचेर प्रसारीत जातलो. तशेंच एअर न्यूज, डीडी न्यूज, पीएमओ आनी म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या युट्युब चॅनलांचेर ताचो थेट प्रसारण जातलें . आकाशवाणी हिंदी प्रसारणा उपरांत रोखडेच प्रादेशिक भाशांनी ही कार्यावळ प्रसारीत करतली.

---------------------------------------

Election

अस्तंत बंगाल विधानसभा वेंचणूक 2026 च्या दुसऱ्या पांवड्या खातीर राज्यभर प्रचाराक नेट आयला. वेगवेगळ्या राजकी पक्षांचे प्रचारक रॅली, रोडशो आनी भौशीक बसकेंत वाटेकर जातात.पक्षाच्या उमेदवारांक तेंको दिवपा खातीर आयज भाजपाचे जेष्ठ फुडारी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी साबार रॅलींनी उलोवपाचे आसात. काल उदेंत बुरडवानांतल्या जमालपूरांत रॅलीक मार्गदर्शन करतना भाजपाचे जेष्ठ फुडारी अमित शाह हाणी आपलो पक्ष सत्तेर आयल्यार एकसारको नागरी संहिता आनी सातवो वेतन आयोग चालीक लावपाचें उतर दिलें. तशेंच बायलां खातीर फुकट बस, प्रवासाचे आश्वासन आनी मतुआ समाजाक आपल्या पक्षाचाचो दिल्लया आदराचे अधोरेखन केलें.तृणमूल काँग्रेसीच्यो जेष्ठ फुडारी ममता बॅनर्जी आनी अभिषेक बॅनर्जी हांणी मतदारांच्या वळेरेंत 32 लाख नांवां परतून हाडपाचेर भर दिलो आनी वगडावपाचो हुस्को करपाची गरज ना अशें लोकांक आश्वासन दिलें.

---------------------------------------

PM

भारतांतल्या नामनेच्या शिक्षणीक संस्थांतल्या श्री राम कॉलेज ऑफ कॉमर्साच्या गव्हर्निंग बॉडीचो आस्पाव आशिल्ल्या शिश्टमंडळाक प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीची भेट जाली. अंदू हे संस्थेचे शतवार्षीक जातात ते निमतान काल रातीं सोशल मिडियाचेर

केल्ल्या पोस्टांत प्रधानमंत्र्यानी  हे संस्थेक शुभेच्छा दिली . हे वेळार तांणी  एक यादस्तीक शिक्कोय प्रकाशित केलो .

---------------------------------------

CM

महाराष्ट्राचे मुखेलमंत्री  देवेंद्र फडणवीस हांणी , सरकार आपलो उदरगतीचो आराखडो तयार करपा खातीर खास करून उदका संवर्धन आनी ग्रामीण रुपांतरांत राजमाता अहिल्याबाई होळकार सारक्या इतिहासीक व्यक्तीं कडल्यान प्रेरणा घेता अशे सांगले. अहिल्यादेवीच्या 300व्या जयंती  निमतान गोडा ते नर्मदा यात्रेची सुरवात करपा खातीर काल कार्यावळीक उलोवप  करतना फडणवीस हाणी  दायज सांबाळप आनी उदरगतीक चालना दिवपाक  एकठांय जावंक जाय अशें सांगलें. मल्हरराव होळकाराच्या उपरांत अहिल्यादेवीन आपल्या राज्याची जापसालदारकी  ल्हान पिरायेचेर सांभाळी  आनी ती निर्धारान मुखार व्हेली अशें मुखेलमंत्र्यानी नमूद केलें . अहिल्यादेवी होळकाराच्या राजवटींत मुखेल धर्मीक थळां आनी भौशीक मुळावी बांदावळ हांची पुनर्बांदणी जाली. मोगल घुरयांक लागून त्र्यंबकेश्वर, सोमनाथ, रामेश्वर, काशी विश्वनाथ ह्या पुजेच्या थळांचें लुकसाण जालें तेन्ना तिणें धैरान आनी वचनबद्धतेन तीं परतून बांदलीं असो मंत्री फडणवीसान उगडास करून दिलो

---------------------------------------

**अश्विनी वैष्णव**

केंद्रीय रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हाणी काल बेंगळुरूंतल्या BEMLलांत ‘आदित्य’ या ‘आत्मनिर्भर’ आनी वेगान चलपी बुलेट ट्रेन तयार करपाच्या प्रकल्पाचे उद्घाटन केलें. ऑल इंडिया रेडिओ आनी दूरदर्शना कडेन उलयतना तांणी ह्या प्रकल्पाचो पयलो नमुनो  फुडल्या वर्सा तयार जातलो, आनी प्रत्यक्ष उत्पादन 2027 वर्साच्या निमाण्याअर्दांत सुरू जावपाचें आसा अशी म्हायती दिली.BYTE

---------------------------------------

Ayog

सरकारान नीती आयोगाची पुनर्रचना केल्या. अर्थशास्त्रज्ञ अशोक कुमार लाहिरी हांची आयोगाचे उपाध्यक्ष म्हणून नेमणूक केल्या. सध्याचे उपाध्यक्ष सुमन के बेरी हांचे सुवातेर ते येतले . लाहिरी हांचे वांगडा सरकारान राजीव गौबा, प्रा.के.व्ही.राजू, प्रा.गोबरधन दास, डॉ. M. Srinivas ,प्राध्यापक अभय करंदीकर हांकां नीति आयोगाचे पूर्णवेळ वांगडी म्हणून नेमल्यात. सोशल मिडियाचेर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी ,भारताच्या धोरण तयार करपाच्या वास्तुकलेंत निती आयोग एक म्हत्वाचो खांबो म्हूण उदेला, सहकारी संघराज्याक पोसवण दिता, सुदारणांक मुखार व्हरता अशे सांगला .

-----------------------------------------

Petrol

देशभरांत पेट्रोलियम उत्पादन आनी एलपीजीची अखंड उपलब्धताय सुनिश्चीत करपा खातीर सरकारान जायतीं पावलां उबारल्यांत. पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयान , देशी घरगुती घरांक एलपीजीची पुरवण करपाक प्राधान्य दिलां . देशभरांत ऑनलायन एलपीजी सिलिंडर बुकींग सुमार 99 टक्क्यां मेरेन वाडल्या आनी ओटीपी आदारीत डिलिव्हरी 94.5 टक्क्यां परस चड जाला . मार्च 2026 सावन 5.61 लाखां परस चड पीएनजी जोडणी जाल्या आनी अतिरिक्त 2.61 लाख जोडणीं खातीर मुळावी बांदावळ तयार केल्या आनी वट्ट 7.97 लाख जोडणी जाल्या.

-----------------------------------------

लाल

अर्बन चॅलेंज फंडा खाला फुडल्या चार वर्सांत शारांच्या उदरगती खातीर एक लाख कोटी रुपया खर्च करतले अशें केंद्रीय घरां आनी शारी वेव्हार मंत्री मनोहर लाल हांणी सांगलें. नवी दिल्लींत द हाउसिंग अँड अर्बन डेव्हलपमेंट कॉर्पोरेशन लिमिटेड कंपनीच्या 56व्या फावंडेशन डे उत्सवाक मार्गदर्शन करतना लाल हांणी राज्य सरकारां हे दिकेन आनीक एक लाख कोटी रुपया खर्च करतले अशी म्हायती

दिली.ट्रांझिट-ओरिएंटेड डेव्हलपमेंट पॉलिसी खाला राष्ट्रीय राजधानींतल्या मेट्रो स्टेशनां लागसारच्या वाठारांनी व्हड घरां बांदपाचे प्रकल्प सुरू करतले अशेंय तांणी उक्तायलें.

--------------------------------------

Startup

उद्देग आनी अंतर्गत वेपार प्रसार खात्यान 10 हजार कोटी रुपयांच्या स्टार्टअप इंडिया फंड ऑफ फंड्स 2.0 खातीर कार्यकारी मार्गदर्शक तत्वां जारी केल्यांत. भारताच्या स्टार्टअप पर्यावरण प्रणालींत भांडवल प्रवाहाची कार्यक्षमताय वाडोवपाचो हेतू आशिल्ल्या निधीची उपयोजन, शासन आनी निरिक्षण हांचे खातीर स्पश्टपणान व्याख्या केल्ल्या यंत्रणे वरवीं कॉर्पस कार्यक्षम करपा खातीर मार्गदर्शक तत्वांनी एक संरचीत चौकटी थारायल्या.

--------------------------------------

Announcement

प्रसार भारतीन दूरदर्शन केंद्र, पणजी हांगा नैमित्तिक पदां खातिर अर्ज

मागयल्यात. संपादकीय सहाय्यक, वृत्तवाचक, सीजी ऑपरेटर पदा खातीर

इत्सुक उमेदवार ३० एप्रिल मेरेन अर्ज करू शकतात

--------------------------------------

Imd

भारतीय हवामान खात्यान फाल्यां मेरेन दिल्ली, हरियाणा, चंडीगढ, छत्तीसगड, हिमाचल प्रदेशत उश्णतायेच्या ल्हारांचो अदमास उक्तायला.

--------------------------------------

Sports

बॅडमिंटनांत काल डेन्मार्कांत जाल्ले उबेर कप फायनलींत भारतीय बायलां पंगडान युक्रेनाचेर 3-0 अशे जैत मेळयलें.

---------------------------------------

परतून एक फावट आयचो मुखेल खबरो

- अस्तंत बंगाल विधानसभा वेंचणूक 2026 च्या दुसऱ्या पांवड्या खातीर राज्यभर प्रचाराक नेट आयला.
- आयज सकाळीं 11 वरांचेर आकाशवाणीचेर जावपी मन की बात कार्यावळींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी देशांतल्या आनी विदेशांतल्या लोकां कडेन आपले विचार मांडटले .
- भारतांतल्या नामनेच्या शिक्षणीक संस्थांतल्या श्री राम कॉलेज ऑफ कॉमर्साच्या गव्हर्निंग बॉडीचो आस्पाव आशिल्ल्या शिश्टमंडळाक प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीची भेट जाली.
- देशभरांत पेट्रोलियम उत्पादन आनी एलपीजीची अखंड उपलब्धताय सुनिश्चीत करपा खातीर सरकारान जायतीं पावलां उबारल्यांत.

---------------------------------------